## दिलीप सरदेसाय स्पोर्ट्स एक्सलन्स पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 14 जुलय 2023

खेळा आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-2024 ह्या वर्सा खातीरच्या 'दिलीप सरदेसाय स्पोर्ट्स एक्सलन्स पुरस्कारा खातीर गोंय खेळा प्राधिकरणाची मान्यताय आशिल्ल्या संबंदीत राज्य पांवड्यावयल्या खेळा संघटनांमार्फत पात्र खेळगड्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

नामनेचे क्रिकेट खेळगडे दिलीप सरदेसाय हांका आदरांजली म्हूण सरकारान हो पुरस्कार सुरू केला. कांस्या प्लेक, सन्मानपत्र आनी 2 लाख रूपया अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा. फाटल्या वर्सा म्हळ्यार एप्रिल 2022 ते 31 मार्च 2023 मेरेनच्या काळांत मान्यताय प्राप्त आंतरराष्ट्रीय वरिश्ठ पांवड्यावयल्या खेळा सर्तीत जशें ऑलिंपिक, संवसारीक सर्त, आशियाई खेळ, कॉमन वेल्थ गेम्स आनी हेर आंतरराष्ट्रीय मान्यताय प्राप्त खेळा सर्तींनी भारताचे प्रतिनिधित्व करून बरे यश मेळयिल्ल्या गोंयच्या खेळगड्यांक हो पुरस्कार भेटयतात. खेळगडो कमीत कमी १५ वर्सां गोंयांत राबीतो करपी आसपाक जाय.

विहित नमुन्यातले अर्ज खेळा आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी हांगाच्यान सकाळी 10.00 ते सांजेच्या 5.00 ह्या वेळेत मेळोवपाक शकता. पुराय भरिल्ले आनी शिफारस करपी अधिकारीणीन प्रमाणित केल्ले अर्ज खेळा कामगिरीच्या प्रमाणपत्रां सयत 31 जुलय 2023 मेरेन खेळा आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी हांगा स्वता सुपूर्द करपाक जाय. उपरांत आयिल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/560

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.